गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी गोंय

<u>सरकारी पत्रक</u>

**<u>राज्यपालाकडल्यान शिक्षक दिसाची परबीं</u>**

ता. 4 सप्टेंबर 2019

राज्यपाल श्रीमती मृदुला सिन्हा हांणी गोंयच्या शिक्षक वर्गाक शिक्षक दिसानिमतान परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, समाजाखातीर योगदान दिवपी शिक्षकांप्रती आदर व्यक्त करपा खातीर प्रत्येक वर्सा भारतात 5 सप्टेंबराक शिक्षक दीस मनयतात. 5 सप्टेंबराक भारताचे पयले उपराष्ट्रपती डॉ.सर्वपल्ली राधाकृष्णन हांचीय जयंती, जे एक म्हान तत्वज्ञानी, शिक्षणतज्ञ आनी सगळ्यात म्हत्वाचे म्हळ्यार एक म्हान शिक्षक आशिल्ले आनी ते खातीर हो दीस शिक्षक दीस म्हुण मनयतात.

शिक्षक हे गिन्यान आनी बुदवंतकायेचे मुर्तरूप आशिल्ल्यान ते विद्यार्थ्यांची सबंद जीणेत जडणघडण करतात आनी तांका घडयतात. आमचे शिक्षक हे आमच्या यशा फाटल्यान आसतात. ते आमकां आमचे गिन्यान , कुशळताय, आत्मविस्वास वाडोवपाक मजत करपा वांगडाच जीणे� � योग्य मार्ग निवडपाक आनी यशस्वी जावपाक मार्गदर्शन करतात.

" जर देश भ्रश्टाचार मुक्त आसपाक जाय आनी राष्ट्र सुंदर मन आनी विचारांचे आसपाक जाय, जाल्यार म्हाका खऱ्यानीच दिसता की अशें तीन सामाजीक घटक आसात, जे बदल घडोवक शकतात आनी ते म्हणल्यार बापूय, आवय आनी शिक्षक." ही उतरां आसात भारताचे मिसायल मॅन सर्गेस्त ए. पी. जे.अब्दुल कलाम हांची. प्रत्येक व्यक्तिच्या मनाचेर आनी समाजाचेर शिक्षकाचो प्रभाव आसता. शिक्षक हो प्रत्येकाच्या जीणेचो म्हत्वाचो भाग आसा. ते व्यक्तिच्या कुशळतायेक आनी योग्यतायेक पोसवण दितात.

डॉ. एस. राधाकृष्णन आपल्या " आधुनिक भारताचे राजकीय विचारवंत" ह्या पुस्तकांत आमच्या सारख्या लोकशाय देशात शिक्षक आनी शिक्षणाचे म्हत्व निदर्शीत करता. तांच्या प्रमाण देश बांदणी खातीर शिक्षक म्हत्वाची भुमिका निभावतात आनी त्या खातीर तांका चड आदर फावता. तांणी भगवत गीतेचेर बरयिल्ल्या पुस्तकात शिक्षकाचे गुरू म्हणून वर्णन केला, जो गिन्यानाचे आदानप्रदान करता.

ह्या प्रसंगार हांव गोंयच्या शिक्षक वर्गाक आपल्या शिक्षकी पेशाचो दर्जो वाडोवपाचो आनी राज्याच्या प्रगती खातीर समर्पित भावना, निश्ठा आनी वचनबद्दतेच्या भावनेन समाजाची सेवा करप� � � चे चालू दवरपाचो उलो मारता, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/562

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA